# एसआयआर मतदांर वळेरी संबंदीत आक्षेप/दाव्यांचेर सुनावणीवणी

ता. 26 डिसेंबर 2025

गोंय राज्य वेंचणुक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान विशेश मतदांर वळेरी उजळणी मोहिमे (एसआयआर) वरवीं उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्ह्याची मतदांर वळेरी तयार करून ती प्रसिध्द केल्या आनी मतदारांनी मतदार वळेरीविशीं कसलेय दावे वा आक्षेप आसल्यार ते 15 जानेवारी 2026 मेरेन सादर करपाक सांगला. अशें आक्षेप/दावे 7 फेब्रुवारी 2026 मेरेन ते निकालांत काडटले. अंतीम वळेरी प्रसिध्द करपा खातीर 10 फेब्रुवारी 2026 मेरेन आयोगाची मंजूरी घेतले आनी 14 फेब्रुवारी 2026 दिसा अंतीम मतदार वळेरी प्रसिध्द करतले.

एसआयआर मतदांर वळेरी संबंदीत मतदारां कडल्यान सादर केल्ले आक्षेप/दाव्यांची तपासणी आनी सुनावणी करपाविशीं संबंदीत मतदारांक नोटिस धाडल्या आनी फुडले प्रमाण संबंदीत सुवातेर सुनावणी जातली. **उत्तर गोंयांत**- 01-मांद्रे विधानसभा मतदारसंघ, जोड मामलेदार कचेरी, पेडणे, 02-पेडणे, कोर्ट रूम, सरकारी संकुल, पयलो माळो, उपजिल्हाधिकारी कचेरी,पेडणे, 03-दिवचल, पंचायत हॉल, ग्रामपंचायत साळ, (भाग क्र. 06 ते 10 सुनावणी) आनी दिवचल नगरपालिका कॉन्फरन्स हॉल (भाग क्र. 1 ते 5 आनी 11 ते 43 खातीर सुनावणी) ; 04-थिवी, सरकारी संकुल, तळमजलो, म्हापशें, 05-म्हापसा, चेंबर, मामलेदार, बार्देस, 06-शिवोली, उपजिल्हाधिकारी कार्यालय आनी जोड मामलेदार कार्यालय, 07-साळगांव, ग्रामपंचायत, पिळर्ण-मार्णा, 08-कळंगुट , म्हापसा नगरपालिका ग्रंथालय, 09-पर्वरी, उपसंचालक, दिव्यांग व्यक्तीं सक्षमीकरण खात्याची कचेरी, पर्वरी, 10-हळदोणा, ओल्ड नगरपालिका इमारत, म्हापसा, 11-पणजी , उपजिल्हाधिकारी आनी मामलेदार कार्यालय, तिसवाडी, 12-ताळगांव, सहाय्यक संचालक (प्रशिक्षण), हस्तकला, वस्त्रोद्योग आनी कॉयर काते. पाटो पणजी, 13-सांताकृज , मनोरंजन तथा भलायकी केंद्र सभाघर, मेरशी चर्च सामकार, मेरशी, 14-सांतआंद्रे , कॉन्फरन्स हॉल, ग्राम पंचायत, नेवरा, नेउरा ; 15-कुंभारजुआ , पंचायत सभाघर, ओल्ड गोवा, तिसवाडी, 16-मये , कोर्ट रूम, उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, दिवचल, 17-सांखळी, मुख्याधिकारी कार्यालय, सांखळी नगरपालिका कार्यालय, 18-पर्ये , उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, वाळपय आनी 19-वाळपय, सत्तरी तालुका मामलेदार कार्यालय, वाळपाय हांगा सुनावणी जातली.

**दक्षीण गोंयांत**- तिस्क-फोंडेच्या सरकारी ईमारत प्रकल्पात 20-प्रियोळ विधानसभा मतदारसंघ (मंत्र्याचो चेंबर, 2रो माळो), 21-फोंडा विधानसभा मतदारसंघ (कोर्ट रूम, 3रो माळो), 22-शिरोडा विधानसभा मतदारसंघ (कोर्ट रूम, पयलो माळो) आनी 23-मडकय विधानसभा मतदारसंघ (बसका सभाघर, पयलो माळो) हांगा सुनावणी जातली.

24-मुरगांव विधानसभा मतदारसंघ, कोर्ट रूम, मुरगांव उपजिल्हाधिकारी, रवींद्र भवन, बायणा वास्को; 25-वास्को दा गामा, मुरगांव मामलेदार चेंबर, वीर सावरकर सभाघर संकुल, रवींद्र भवन, बायणा वास्को; 26- दाबोळी, पयलो माळो, भौवउद्देशीय चक्रीवादळ निवारो, दाबोळी, 27-कुठ्ठाळी, ग्राम पंचायत हॉल, इंडियन ओव्हरसीज बँके लागी, कुठ्ठाळी.

मडगांवच्या माथानी साल्डाणा प्रशासकीय संकुलात - 28-नुवें – रूम नं. 120, पयलो माळो, 29-कुडतरी, रूम नं. 129, पयलो माळो, 30-फतोर्डा, कोर्ट रूम नं.107, पयलो माळो, 31-मडगांव, कोर्ट रूम नं. 146, पयलो माळो, 32-बाणावली, कोर्ट रूम नं.143, पयलो माळो, 33-नावेली, कोर्ट रूम नं. 126 आनी 127, पयलो माळो, 34-कुंकळ्ळी, कुंकळ्ळी नगरपालिका हॉल, 35-वेळ्ळी, कोर्ट रूम नंबर 312, उपजिल्हाधिकारी, तिसरा माळो, माथानी साल्डाणा प्रशासकीय संकुल, मडगांव.

36-केपे, चेंबर/कोर्ट रूम, केपे मामलेदार, केपे, 37- कुडचडे, कुडचडे-काकोडा नगरपालिका सभाघर, नवीन प्रशासकीय इमारत,कुडचडे, 38-सावर्डे, कोर्ट रूम, उपजिल्हाधिकारी, सरकारी कार्यालय संकुल इमारत, धारबांदोडा, 39-सांगे, कोर्ट रूम, उपजिल्हाधिकारी, कार्यालय, सांगे आनी 40-काणकोण, सभाघर, उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, काणकोण हांगा सुनावणी जातली.

ज्या मतदारांक बीएलओ/वेंचणूक अधिकाऱ्या कडल्यान नोटिस मेळ्ळ्या अशां सगळ्यां मतदारांनी आवश्यक दाखल्या सयत आपल्या संबंदीत मतदारसंघाच्या सुनावणीच्या सुवातेर भेट दिवची.

एसआयआर मतदांर वळेरी संबंदीत आक्षेप/दाव्यांचेर सुनावणी करून वेंचणूक अधिकाऱ्यान दिल्लो निर्णय खंयचोय राजकीय पक्ष वा मतदाराक अमान्य आसल्यार लोकप्रतिनिधी कायदो 1950 च्या कलम 24(अ) खाला जिल्हा वेंचणूक अधिकाऱ्या मुखार अपील करपाक शकतात. तशेंच पयल्या अपीलेट अधिकारीणीन दिल्ल्या निर्णयाआड कलम 24(ब) खाला मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्या मुखार दुसरो अपील करपाक शकतात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/980

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.